**Panaji National**

**3rd November 2025 8.40am**

- देशाच्या चलयानी  क्रिकेटांत इतिहास रचला. भारतान दक्षीण आफ्रिकेक 52 धांवड्यांनी हारयत बायलांच्या वन डे वर्ल्ड कप क्रिकेट सर्तीचें पयलेच खेप वस्तादपण जोडलें.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत उदयोन्मुख विज्ञान आणि तंत्रज्ञान नवोन्मेष परिषद (ESTIC) 2025 चें उक्तावण करतले. एक लाख कोटी रुपयाचो संशोधन, उदरगत आनी नवनिर्माण येवजण निधीय सुरू करतले.

- इसरोन काल सांजवेळार भारताचो सगळ्यांत जड संचारण उपगिरो CMS-03 (GSAT-7R) चे प्रक्षेपण केले.

- बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्या खातीरचो प्रचार तेंगशेर पावला. ह्या टप्प्या खातीरचो प्रचार फाल्यां सांजवेळा सोंपता.

देशाच्या चलयानी  क्रिकेटांत इतिहास रचला. भारतान दक्षीण आफ्रिकेक 52 धांवड्यांनी हारयत बायलांच्या वन डे वर्ल्ड कप क्रिकेट सर्तीचें पयलेच खेप वस्तादपण जोडलें. काल नवी मुबीत जाल्ल्या खेळांत भारतान पयलीं बॅटींग करतना 7 बाद 298 धांवड्यो काडल्यो. जाप दितना दक्षीण आफ्रिकेचो डाव ४५. ३ ओव्हरींत 246 धांवड्यांचेर सोंपलो. शफाली वर्मा आनी दिप्ती शर्मान अश्टतासी खेळ करीत भारताच्या जैतांत मोलाचो वांटो उखल्लो. शफालीक Player of the Match, जाल्यार दीप्ती शर्माक Player of the Tournament पुरस्कार फावो जालो.

दक्षीण आफ्रिकेची कॅप्टन लॉरा वोल्मार्टान 101 धांवड्यो केल्यो.

आयसीसी बायलां क्रिकेट विश्वचषक 2025 फायनलींत भारतीय पंगडाक उल्लेखनीय जैत मेळिल्ल्यान राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परबीं दिल्यात.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी भारतीय पंगडाक परबीं दितना सांगलें, ही इतिहासीक कामगिरी बायलांच्या क्रिकेटाक आनीकय उंचायेर व्हरतली.   भारताची कामगिरी अद्भुत कौशल्य आनी आत्मविस्वासान भरिल्ली आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत उदयोन्मुख विज्ञान आणि तंत्रज्ञान नवोन्मेष परिषद (ESTIC) 2025 चें उक्तावण करतले. ह्या वेळार, प्रधानमंत्री देशांतल्या संशोधन आनी उदरगत पर्यावरण परिसंस्थेक चालना दिवपा खातीर एक लाख कोटी रुपयाचो संशोधन, उदरगत आनी नवनिर्माण येवजण निधीय सुरू करतले. आज सुरु जावपी तीन दिसांची परिशद ह्या म्हयन्याच्या 5 तारखेक सोंपतली. ESTIC 2025 चो हेतू शिक्षणीक मळ, संशोधन संस्था, उद्देग, आनी सरकारांतल्या 3,000 परस चड भाग घेवप्यांक एकठांय हाडपाचो आसा. तातूंत उलोवपां, पॅनल चर्चा, सादरीकरणां आनी तंत्रज्ञान प्रदर्शनां आसतलीं, भारताची विज्ञान आनी तंत्रज्ञान पर्यावरण प्रणाली घटमूट करपा खातीर संशोधक, उद्देग आनी तरणाटे नवनिर्माण करप्यां मदीं सहकार्याक एक मंच दितले.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी काल उत्तराखंडांतल्या तीन दिसांच्या भोंवडेच्या पयल्या दिसा देहरादून आनी हरिद्वारांतल्या वेगवेगळ्या कार्यावळींनी वांटो घेतलो. हरिद्वारांतल्या पतंजली विद्यापिठाच्या दीक्षांत सुवाळ्यांत तांणी उलोवप केलें. भारताच्या महान व्यक्तींनी मानवी संस्कृतीच्या विकासात अमूल्य योगदान दिलां अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें.

महान ऋषी पतंजली हाणी योगासनां वरवीं मनातली, व्याकरणा वरवीं वाणीतली आणि आयुर्वेदा वरवीं शरीरातली अशुद्धी पयस केली, अशे तांणी म्हळें. आज त्यो उत्तराखंड विधानसभेच्या खासा अधिवेशनांत उलोवप करतल्यो तशेच नैनिताल राजभवनाक १२५ वर्सा पुराय जाल्ल्या निमतान आयोजित खासा कार्यावळींत वाटो घेतल्यो.

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन आयज दोन दिसांच्या केरळ भेटीचेर तिरुवनंतपुरम पावतात. उपराष्ट्रपति जाल्या उपरांत हो तांची राज्याक पयली भेट.

इसरोन काल सांजवेळार श्रीहरिकोटा सावन भारताचो सगळ्यांत जड संचारण उपगिरो CMS-03 (GSAT-7R) चे प्रक्षेपण केले.

भारतीय नौदलाखातीर आतां मेरेनचो सगळ्यांत प्रगत संचारण उपगिरो, LVM3-M5 रॉकेटा वरवीं प्रक्षेपित केलो, आंध्र प्रदेशांतल्या श्रीहरिकोटा हांगाच्या सतीश धवन अंतरिक्ष केंद्रांतल्यान प्रक्षेपन जाले. उपरांत इस्रोन उपग्रहाक येसस्वीपणान वेगळो

करून ताका भू-समकालिक हस्तांतरण कक्षात स्थापित केलो. CMS-03 भारतीय नौदलाच्या अंतराळ-आधारित संचारण आणि सागरी देखरेखीची क्षमता घटमूट करतली.

भारतांतलो सगळ्यांत जड संचारण उपग्रह सीएमएस-०३ च्या यशस्वी प्रक्षेपना खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटणेक परबीं दिल्यांत. सोशल मिडिया पोस्टांत मोदी हांणी अंतरिक्ष क्षेत्र उत्कृश्टताय आनी नवनिर्माणाचो पर्याय जाला हाची तोखणाय केली.

केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान राज्यमंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हांणी इसरोच्या कामगिरीची तोखणाय केली.

बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्या खातीरचो प्रचार तेंगशेर पावला. ह्या टप्प्या खातीरचो प्रचार फाल्यां सांजवेळा सोंपता. काल एनडीए आनी महागठबंधनच्या वरिश्ठ फुडाऱ्यांनी वेंचणूक जावपा आशिल्ल्या मतदारसंघांनि जायत्या वेंचणुक रॅलींनि उलोवप केलें. भाजपाचे स्टार प्रचारक आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल सांजवेळा राजधानी पाटणांत दिनकर गोलंबर सावन इतिहासीक गांधी मैदान मेरेन मेगा रोड शो केलो. 1.5 किमी परस चड लांब रोड शो वेळार लोकांनी खास करून बायलो आनी एनडीए कार्यकर्त्यांनी प्रधानमंत्र्यांक येवकार दिलो. पयल्या टप्प्यांत 121 विधानसभा मतदारसंघांनि 6 नोव्हेंबराक मतदान जातलें.

बिहार विधानसभा वेंचणुके वेळार कसलेच प्रकारची हिंसाचाराची कृती खपवून घेवचे ना आणि मतदार शांततेत आणि मुक्तपनान मतदान करपाक शकतले, असे मुख्य वेचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हाणी सांगले.

अशी परिस्थिती वेंचणूक आयोग कडकपणान हाताळटलो अशें मुखेल वेंचणूक आयुक्तान कानपूरांत पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. सगळ्या मतदारांक शांततायेन, मुक्तपणान आनी पारदर्शकपणान मतदान करपाक मेळटलें अशें आश्वासन तांणी दिलें. हे खातीर आयोग पुराय तयार आसा अशें तांणी सांगलें.

कानपूरांत भारतीय तंत्रज्ञान संस्था कानपूरान काल मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांकां विशिश्ट आदलो विद्यार्थी पुरस्कार भेटोवन तांचो भोवमान केलो. १९८९ वर्सा स्थापन जाल्लो विशिश्ट आदलो विद्यार्थी पुरस्कार हो आयआयटी कानपूर

आपल्या आदल्या विद्यार्थ्यांच्या उत्कृश्ट कामगिरीच्या सम्मानात दिता तो सर्वोच्च पुरस्कार. कुमार हांणी 1985 वर्सा आयआयटी कानपूरांतल्यान सिव्हिल इंजिनियरिंगांत बी.टेक. पदवी मेळयली. काल तांकां हो पुरस्कार संस्थेच्या 66व्या स्थापना दीस सुवाळ्यांत भेटयलो.

त्रिशूल या तिनूय सेवांच्या लष्करी सरावात नौदल प्रमुख भूमिका साकारता. हो सराव १३ नोव्हेंबरपर्यंत सुरू आसतलो. संरक्षण मंत्रालयान सांगले की, या सरावाचे उद्दिष्ट तिनूय सेवांमदि ऑपरेशनल प्रक्रियांची चाचणी आणि समन्वय साधप आसा. ताका लागून बहु- क्षेत्रीय वातावरणांत संयुक्त प्रभाव-आधारित कार्यावळी सक्षम जातली.

परराश्ट्र राज्यमंत्री पबित्रा मार्गेरिटा मंगळारा सावन इक्वाडोर, बोलिव्हिया आनी क्यूबाच्या भोंवडेर वतले. ह्या देशांतल्या राजकी फुडाऱ्यांक मेळून परस्पर हिताच्या मुद्द्याचेर चर्चा करून द्विपक्षीय संबंदांतल्या प्रगतीचो ते नियाळ घेतले अशी अपेक्षा आसा. ह्या भेटी वेळार मार्गेरिटा वेवसायीक आनी भारतीय समुदायाच्या प्रतिनिधीं कडेनय संवाद सादपाचो आसा अशें परराश्ट्र मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

भारतीय हवामान खात्यान आज अंदमान आणि निकोबार जुंव्यांचेर  गडगड आनी नेटान वारे मारपाचो अदमास उक्तायला. मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, राजस्थान आनी अस्तंत मध्य प्रदेशात काय सुवातींनी आज अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

दादल्यांच्या क्रिकेटांत होबार्टच्या बेलेरीव्ह ओव्हलांत काल जाल्ल्या तिसऱ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान ऑस्ट्रेलियेक 5 विकेटींनी हारयलो. 5 विकेटी आनी 9 बॉल उरिल्ले आसतना भारतान 187 धांवड्यांचें लक्ष्य पुराय केलें.  ह्या जैतान भारतान पांच मॅचींच्या माळेंत 1-1 अशी बरोबरी साध्य केल्या. अर्शदीप सिंगाक प्लेयर ऑफ the match जाहीर केलो.